आकाशवाणी पणजी

03/06/2025

राष्ट्रीय खबरो

6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज आसामाचे मुख्यमंत्री हिमंत विश्व सरमा आनी सिक्किमाचे मुख्यमंत्री प्रेमसिंह तामांग वांगडा केल्या उलोवपात राज्यांतल्या हुंवारा या परिस्थितीचो नियाळ घेतलो, केंद्र सरकारात हुंवार बादीत वाठारांनी मजत आनी पुनर्वसन यत्नांक पुराय आदार दितले अशे आश्वासन तांणी ह्यावेळार दिले. मजगती प्रधानमंत्र्यानी दिल्ल्या आदारखातीर सिक्किमाचे मुख्यमंत्री प्रेमसिंह तामांग हांणी तांचे उपकार मानले. परिस्थिती हाताळपाक आनी बाधित लोकांक गरजेची सगळी मजत दिवपाक राज्य सरकार पुरायपणान बांदिल आसा अशें तांणी सांगलें. /

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या 6 तारखेक जम्मू-काश्मीरांतल्या चिनाब पुलाचें उक्तावण करतले अशी म्हयती केंद्रीय मंत्री डॉ जितेंद्र सिंग हाणी सोशल मिडियावरवी दिली.. जम्मू-काश्मीरांतल्या नव्या भारताच्या बळग्याचें आनी अभिमानाचें प्रतीक म्हणून संवसारांतलो सगळयांत उंच रेल्वे पुल चिनाब पूल उधमपूर-श्रीनगर-बारामुल्ला रेल्वे प्रकल्पाचो एक भाग आसून तो सगळयांत कठीण सैमीक आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर तयार केल्लो अशें तांणी सांगले./

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी आयज नवी दिल्लीत महसूल गुप्तचर संचालनालय-डीआरआय मुख्यालयाच्या नव्या इमारतीचें उक्तावण केलें, महसूल गुप्तचर संचालनालय है राष्ट्रीय अर्थीक मळार मुखेल राखणदार आसा/अशें सिणे लोणी हयावेळार उलयत्तना सांगलें. तस्करी, ड्रग्स वेव्हार वा बेकायदेशीर वेपार अशा धोक्यांक लागून देशाची राखण करपाक डीआरआयची महत्वाची भुमिका आसा आनी भारताचे राश्ट्रीय सुरक्षा वेवस्थेत DRI मुख डीआरआय हो एक घट दुवो आसा अशें ताणी सांगले.

नव्या भलायकी धोरणाक लागून समावेशक आनी समग्र भलायकी वेवस्थेक म्हत्व मेळटलें अशें केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जे पी नड्डा हांणी सांगलें, कर्नाटकांतल्या बेलगांवांत आयज केएलई ॲकॅडमी ऑफ हायर एज्युकेशन अँड रिसर्चाच्या 15व्या दीक्षांत सुवाळयात ते

उलयताले / देशभरांत 1 लाख 77 हजार आयुष्मान आरोग्य मंदिरावरवी दुर्येसांचे निदान आनी आळाबंदा हाडपाखातीर /सामुहीक तपासणी करतात अशी म्हायती हयती ताणी दिली.

भारतांत चडशा राज्यांनी सौर उर्जेचो सांठो उद्देगीक उर्जेपरस सवाय आसा अशें केंद्रीय नवीकरणीय उर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी होणी सोमलां, भारताच्या उद्देगीक उदरगतींत हो एक मैलचो फतार थारला अशें ताणी म्हळा. दर किलोवॅटाक 6 रुपया दरान देशांत वीज पुरवण करूं येता, कोळशान चलपी प्रकल्पां परस हे दर उणे आसात अशें कॅलिफोर्निया विद्यापिठान केल्ल्या अभ्यासांतल्यान स्पश्ट जालां./

भारत समावेशी, टिकावू आनी फुडाराच्या डिजिटल उदरगती खातीर बांदिल आसा/अशें केंद्रीय दूरसंचार राज्यमंत्री चंद्रशेखर पेम्मासानी होणी सांगलां, ब्राझीलांत जाल्ल्या ब्रिक्साच्या इकराव्या दूरसंचार मंत्रिमंडळ परिशदेंत ते उलयताले. तांणी भारताची डिजिटल भौशीक मुळावी बांदावळ समावेशक आनी परिवर्तनकारी डिजिटल सूशासनाखातिर जागतीक मापदंड म्हूण सादर केली .

पहलगाम आतंकवादी हल्लो आनी ऑपरेशन सिंदूराचे उपरांत संसदेचें खाशेलें अधिवेशन घेवपाची मागणी इंडिया आघाडीन केल्या. आयज नवी दिल्लीत इंडिया आघाडीच्या बसकेंत हो निर्णय घेतलो, ते प्रमाण इंडिया आघाडीच्या सोळा घटक पक्षांनी संसदेचें खाशेलें अधिवेशन आपोवपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीक पत्र बरयलां अशें कॉंग्रेसीचे खासदार दीपेंद्र सिंग हुड्डा हांणी पत्रकारांकडेन उलयतना सांगलें./

विकसीत शेतीशिवाय विकसीत भारताचें सपन पुराय जावचे ना अशें केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी म्हळा / कृशी मंत्री आयज पुण्याचे भोंवडेर आसात / ताणी नारायणगांवांतल्या शेतकी उत्पादन बाजार समितीक भेट दिवन शेतकारांवांगडा संवाद सादलो, शेतकी मळार संशोधन शेतकारांच्या हातांत आसचें खातीर सरकार यत्न करता अशें तांणी सांगलें,

पहलगाम आतंकवादी हल्लो आनी ऑपरेशन सिंदूराचे उपरांत संसदेचें खाशेलें अधिवेशन घेवपाची मागणी इंडिया आघाडीन केल्या. आयज नवी दिल्लीत इंडिया आघाडीच्या बसकेंत हो निर्णय घेतलो, ते प्रमाण इंडिया आघाडीच्या सोळा घटक पक्षांनी संसदेचें खाशेलें अधिवेशन आपोवपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीक पत्र बरयलां अशें काँग्रेसीचे खासदार दीपेंद्र सिंग हुड्डा हांणी पत्रकारांकडेन उलयतना सांगलें./

विकसीत शेतीशिवाय विकसीत भारताचें सपन पुराय जावचे ना अशें केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी म्हळा / कृशी मंत्री आयज पुण्याचे भोंवडेर आसात / ताणी नारायणगांवांतल्या शेतकी उत्पादन बाजार समितीक भेट दिवन शेतकारांवांगडा संवाद सादलो, शेतकी मळार संशोधन शेतकारांच्या हातांत आसचें खातीर सरकार यत्न करता अशें तांणी सांगलें, बनावट बियो आनी सारें विकपी लोकांचेर खर कारवाय जातली अशी शिटकावणी तांणी ह्यावेळार दिल्या. /

आसमात हुंवाराची स्थिती गंभीर जाल्ल्या. राज्य सरकारान हुंवार बादीत नागरिकां खातीर 165 मजत शिबिर आनी 157 मजत केन्द्रा सुरु केल्यात. तशेच जिल्ह्यांनी राज्य आपत्ती प्रतिसाद दळाचे पंगड तैनात केल्यात मजगती सिक्किमांतल्या लाचेनांत जायत्या सुवातींनी भूयघसरणीक लागून 150 परस चड पर्यटक आडकल्यात. भारतीय वायुसेनेन हुंवार बादीत वाठारांनी मदत आनी बचाव कार्यावळ सुरु केल्या/

इतले मजगती भारतीय हवामान खात्यान आसाम, मेघालय, मिझोराम, मणिपूर, नागालँड, त्रिपुरा सयत ईशान्य भारतांत चड पावसाखतिर ऑरेंज अलर्ट जारी केला.

IPL T20 क्रिकेट सर्तीत पंजाब किंग्स आनी रॉयल challengers हो खेळ अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी मैदानात सांजे साडेसात वरांचेर सुरु जातलो बंगळुरू पंगडामंदी /विजेते पदाखतिर खेळ जातलो